भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# पावलाची अद्भुत भोंवडी



बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Janie Forest
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Ruth Klassen

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2024 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.

जेजूचो सेवक पावलू आनी सिलास
बंदखणींत आशिल्ले. तांणी
कांयच वायट केल्लें ना – तांणी
एका बायलेंतल्यान एक
वायट आत्मो भायर काडिल्लो.
तांणी मूर्ती पुजा करपी फिलीपी
लोकांक खऱ्या देवाची आनी ताचो
पूत जेजूची शकती दाखयली.
ते खातीर
तांकां धरले,
चाबकान
मारले आनी
बंदखणींत दवरले.





पावलू आनी सिलास राग आनी कडू आसतले अशी तुमकां अपेक्षा आसूं येता. पूण ते नाशिल्ले. खरें म्हणल्यार मध्यान रातीं ते उठून बसून देवाची स्तुती स्तोत्रां गायताले! हेर सगळ्या कैद्यांनी आनी बंदखणींतल्या मनशान तांचें आयकलें.



अचकीत गायन थांबलें. देवान बंदखण हालोवपाक भूंयकाप धाडलो. सगळीं दारां उकती जालीं. सगळ्यांच्यो साखळी सुटल्यो.





आरे – आरे! ह्या बोवाळांत सगळे कैदी पळून गेल्ले हाची खात्री जेलराक आशिल्ली. एकलो लेगीत सुटलो जाल्यार जेलराक मरणाची ख्यास्त मेळटाली. दुख्खाची गजाल म्हळयार बिचाऱ्या जेलरान आपली तलवार काडली. ताणे स्वताक मारून उडोवपाक आनी तें सोंपोवंक नियोजीत केल्लें.

पूण पावलून उलो मारलो, “तुका वायट करुं नाका, कित्याक आमी सगळे हांगा आसात.” जेलरान तें पळोवन म्हणलें, “साहेब, हांवे वाचपा खातीर कितें करचें?” देखून तांणी म्हणलें, “प्रभु जेजू क्रिस्ताचेर विस्वास दवरात आनी तुमी आनी तुमच्या घरांतले लोक वाचतले.” खोशीन जेलराक विस्वास आयलो.





दुसऱ्या दिसा सुटका जाल्लो पावलू आनी सिलास जेजू विशीं लोकांक सांगून हेर जायत्या शारांनी भोंवले. कांय जाणांनी विस्वास दवरलो, कांय जाणांनी तांकां दुखोवपाचो यत्न केलो. पूण देव आपल्या सेवकां वांगडा आशिल्लो. एके राती पावलून जायतीं वरां प्रचार केलो. उक्त्या जनेला कडेन बसून आशिल्ल्या एका तरणाट्याक न्हीद आयली. कितें जालें हाचो अदमास काडूं येता.



सगळ्यांक खबर आशिल्लें
तो तरणाटो मेलो. पूण
पावलू सकयल देंवलो आनी
ताका वेंग मारली, “ताचो
जीव तातूंत आसा.” तांणी
त्या तरणाट्याक जिवो
भितर हाडलो आनी ते
खूब खोशी जाले.

पावलू आनी सिलास युरोपांत भोंवतना जायते साहस जाले. पावलूचो एक व्हडलो साहस तो तारवांत आसतना घडलो. हें व्हडलें दर्याचें तारूं नाशिल्लें, तर वादळी हवामानांत सहजपणान पडपाची पालवी बोट आशिल्लीं.





पावलूक परतून धरलो म्हणून तारवांत आशिल्लो. आतां ताका संवसाराची राजधानी आशिल्ल्या रोमांत सम्राटा मुखार हाजीर जावचें पडलें. व्हड वाऱ्याक लागून तारवटी मंद जाले. फुडें वादळी हवामान आसा अशें दिसतालें. पावलू आनी हेर कैद्यां खातीर तशेंच तारवटी खातीर ही एक खर भोंवडी आशिल्ली.

“ही भोंवडी संकश्टान सोंपतली हें म्हाका कळ्ळां” पावलून शिटकावणी दिली. कॅप्टनान आयकलें ना. दर्यांत भायर सरून ते गेले. व्हडलें वादळ आयलें तेन्ना तारूं मोडची न्हय अशी आस्त बाळगून तांणी तारवा भोंवतणी दोरी बांदली. तारूं मोडली जाल्यार ती सगळ्यां खातीर उदकाची कबर आशिल्ली.



तारूं इतलें वादळान उडयलें की कॅप्टनान सगळयांक तें हळुवार करपाक आदार करपाचो आदेश दिलो. तिसऱ्या दिसा तांणी तारवाची दोरयो दर्यांत उडयली. घडये ताका लागून उपकार जातलो.



रातच्या वेळार एक देवदूत पावलू कडेन उबो रावलो आनी ताका सांगलें की गजाली बऱ्यो जातल्यो. जेन्ना पावलून म्हणलें हेरांक उर्बा मेळ्ळी “भियेवं नाकात, कारण म्हाका सांगिल्लें तशें जातलें अशें हांव देवा कडेन मानतां. पूण, आमी एका खाशेल्या जुंव्याचेर धांवून वचूंक जाय.”



कांय दिसांनी माल्टा जुंव्या लागसार ही बोट मोडून पडली. फातराच्या उथळ न्हंयचेर पडून ती मोडून पडली. पेंवपाक येवपी लोकांक पयलीं दर्यांत उडी मारून जमनीर पावपाची आदन्या कॅप्टनान दिली. उरिल्लेय सुरक्षीतपणान पळून गेले, कांय जाण फळयांचेर आनी कांय जाण तारवाच्या मोडून पडल्ल्या कुडक्यांचेर.



माल्टाचेर देवान आपली शकती दाखयली. ते उज्या खातीर लांकूड एकठांय करताना, एक सोर्पान पावलूक चाबलो. ताका मरण येतले अशें लोकांक दिसतालें. पूण सोर्पाच्या चाबण्यान कसलेंच लुकसाण जालें ना. मागीर लोकांक पावलू देव अशें दिसलें. जायते दुयेंत लोक आयले आनी पावलून तांकां मागणें केल्या उपरांत देवान तांकां बरे केले.



निमाणें पावल रोमाक पावलो. ताची न्यायालयीन केस आयकूंक दोन वर्सां वयर लागलीं. त्या काळांत पावलून घर भाड्यान घेतले आनी ताका भेट दिवपी लोकांक मेळ्ळो.

पावलू आपल्या भेटीदारांक कितें सांगतालो तें तुमकां खबर आसा? देवाचें राज्य! प्रभु जेजू क्रिस्त! पावलू आपल्या हेर सगळ्या भोंवडें प्रमाण रोमांत देवाचो सेवक आशिल्लो.



“हांवें बरें झूज केलां, हांवें सर्त सोंपयल्या, हांवें भावार्थ सांबाळ्ळा” अशें पावलून रोमा थावन बरयलें. ताचें जिवीत कशें सोंपलें तें पवित्र पुस्तकांत सांगिल्लें ना, पूण हेर पुस्तकांनी सांगलां की पावलूक रोमांत सम्राट नीरोच्या आदेशा प्रमाण ताची तकली कापली.



# पावलाची अद्भुत भोंवडी

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

प्रेषितांचीं कृत्यां १६, २७, २८

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

# शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि
हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात!   जुांव 3:16